**Panaji National News**

**27 Jan 2026** **6.30pm**

**नरेंद्र मोदी**

भारत आनी युरोपीय संघटणेन आयज मुक्त वेपार करार अंतिम स्वरूप दिले. नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो कोस्टा आनी युरोपीय आयोगाची अध्यक्ष उर्सुला फॉन डर लेयेन हांचे मदीं प्रतिनिधी मंडळ पातळेचेर उलोवणी जाली. भारत आनी युरोपीय संघटणेन आयज वेपार, सुरक्षा, संरक्षण भागीदारी, हालचाल, आपत्ती जोखीम वेवस्थापन, पाचवें हायड्रोजन ह्या मळार सात कबलातींचो आदान-प्रदान केलो.ह्या संदर्भार उलयतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें, भारत आनी युरोपीय संघाचे संबंद घट जाल्यात, आनी संबंद नव्या उंचायेर पावल्यात. तांणी सांगलें, हो फकत वेपारी करार न्हय, तर वांटून घेतिल्ल्या समृध्दीचो नवो नकासो.प्रधानमंत्री हांणी सांगलें, भारतान आयज 27 राश्ट्रांच्या युरोपीय संघटने कडेन आपलो सगळ्यांत व्हडलो मुक्त वेपार करार केला. हाका लागून गुंतवणूक वाडटली, नवी नवनिर्माण भागीदारी तयार जातली आनी संवसारीक पांवड्यार पुरवण साखळी घटमूट जातली अशें तांणी सांगलें. byte

**डीआरडीओ**

प्रगत तंत्रगिन्यानाची उदरगत करून राष्ट्राची सुरक्षा चौकटी घटमूट करपाक संरक्षण संशोधन आनी उदरगत संघटणेन म्हत्वाची भुमिका साकारल्या अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान आयज सांगलें. नवी दिल्लींतल्या डीआरडीओ शास्त्रज्ञांच्या अभिनंदन सुवाळ्याक संबोधीत करतना मंत्री हांणी सांगलें, डीआरडीओ कडेन विमान, क्षेपणास्त्रां, शस्त्रां, आनी प्रगत संगणन ह्या मळार 45 लॅब आसात आनी ताका लागून देशाच्या संरक्षण क्षमतांचो फाटीचो कणो जाला. आयच्या गतीशील संवसारांत, जंय तंत्रगिन्यानाची उदरगत जायत रावता, थंय देशांतल्या संरक्षण पर्यावरण यंत्रणेक बळगें दिवपा खातीर पीएसयू, उद्देग आनी शिक्षणीक मळां मदीं सहकार्याची पर्यावरण प्रणालीची गरज आसा अशें तांणी भर दिलो. byte

**75 सर्वपक्ष बसका**

संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज संसद घर परिशिश्टांत सर्वपक्ष बसका आपयली. केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगाचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे. राज्यसभेंतले सभाघराचे फुडारी जे पी नड्डा, केंद्रीय संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू, संसदीय वेव्हार राज्यमंत्री अर्जुन राम मेघवाल आनी डॉ एल मुरुगान हे निमतान हाजीर आशिल्ले. कॉंग्रेस फुडारी जयराम रमेश, द्रविदा मुनेत्र कझगम फुडारी तिरुची शिवा, त्रिमूल कॉंग्रेस फुडारी सगरीका घोसे, समाजवादी पक्षाचे खासदार रामगोपाल यादव हे बसकेक हाजीर आशिल्ले. संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन फाल्यां सुरू जातलें

70 **भारत उर्जा सप्तक 2026**

भारत उर्जा सप्तक 2026 चे आयज केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री  हरदीप सिंग पुरी, युएईचो उद्देग आनी प्रगत तंत्रज्ञान मंत्र  सुलतान अहमद अल जाबेर आनी  गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांचे उपस्थितीत जाले. ते आदी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आभासी पद्धतीन ह्या सुवाळ्याचे उक्तवण केले.

उर्जा संवादाक कृतींत, नवनिर्माणाक अंमलबजावणींत आनी महत्वाकांक्षाक ठोस परिणामांत रुपांतरीत करपाक ही सांवसारिक परिशद एक महत्वाचोर आंतरराष्ट्रीय मंच आसा अशें उलोवप्यानी ह्या वेळार सांगले.

आपल्या मुखेल उलोवपांत मंत्री पुरी हांणी म्हणलें की मा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला उर्जा सुरक्षा, आत्मनिर्भरता आनी हवामान न्याय हांचे कडेन भारतान केल्ल्या स्थिर आनी लवचीक प्रगतीचो तांणी नियाळ घेतलो.

**मंत्री राममोहन नायडू**

भारताची प्रादेशिक येरादारी विमान पर्यावरण यंत्रणा विकसीत करपा खातीर ब्राझीलीची मुखेल एरोस्पेस निर्मातो एम्ब्रायर आनी अदानी गट हांचे मदीं कबलात करपाचे अध्यक्षपद आयज नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांणी केलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्रीमंडळान सांगलें, प्रादेशिक हवाई जोडणी खातीर शेवटाक ते शेवटाक देशी उपाय तयार करपाक संघटनेचो मुखेल वांटो आसतलो.घरगुती घटक उत्पादन आनी देखरेख, दुरुस्ती, ओव्हरहाल (एमआरओ) सेवां खातीर भागीदारी केल्यार मेक इन इंडिया खातीर देशाची वचनबद्धताय घट जातली आनी जागतीक विमान पुरवण साखळींत राष्ट्राचें एकीकरण घटमूट जातलें

**हवामान**

हरियाणाच्या जायत्या जिल्ह्यांनी आयज मध्यम पावस आनी गारांची वादळ जावपाची शक्यताय आसा, तातूंत भिवाणी, हिसार, फतेहाबाद, सिरसा, सोनीपत, जिंद हांचो आस्पाव जाता. फतेहाबादांतल्या रोहतक, मेहम, नहला हांगा पावसावांगडाच व्हड प्रमाणांत गारांचे वादळ जाले, जाल्यार बरवाला, अग्रोहा, बहलगढ, सोनीपत, भुना हांगाय व्हड प्रमाणांत गारांचे वादळ पडले. गाराच्या वादळाक लागून मोसंबी, गंव, आनी हेर रबी पिकांक लुकसाण जालां.हवामानांतल्या ह्या अचकीत बदलाक लागून तापमानांत खूब देंवती कळाव जाला. फाल्यां लेगीत एकसुरे वाठारांनी हळुवार ते मध्यम पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.